# राज्यपाल कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतींक अर्थीक मजत भेटयतले

ता. 29 ऑगस्ट 2024

राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई फाल्या 30 ऑगस्ट 2024 दिसा सकाळी 11.30 वरांचेर राज भवनार आयोजीत कार्यक्रमात राज्यपाल निधीतल्यान 272 कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतीक अर्थीक मजत भेटयतले.

भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हे ह्या कार्यक्रमाक मानाचे सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले.

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयचें राज्यपाल म्हूण ताबो घेतले उपरांत राज्यपाल निधीतल्यान गोंयांतल्या गरजवंत कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतीक अर्थीक मजत दिवपाची येवजण जाहीर केली आनी आता मेरेन हे येवजणे खाला अशां अनेक गरजवंत दुयेंतीक अर्थीक मजत भेटयल्या. राज्यपालान राज्यांतल्या अनाथाश्रम, वृध्दाश्रम आनी गरीबांची सेवा करपी हेर संस्थांनी भेट दिवन अशां संस्थांकय अर्थीक मजत भेटयल्या.

राज्यपाल निधीतल्यान गोंयांतल्या गरजवंत कॅन्सर, डायलिसिस आनी हेर दुयेंतीक अर्थीक मजत दिवपा खातीर राजभवना वतीन सुरू केल्ली ही म्हत्वकांक्षी येवजण आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/452

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.